Result ganesh 130

गोंय शालांत मंडळान घेतिल्ले धावेचे परिक्षेचो निकाल सोमारा, 7 एप्रिलाक सांजेच्या 5 वरांचेर जाहीर जातलो. निकाल, मंडळाचे अधिकृत संकेतथळार अपलोड करतले. विद्यार्थ्यांनी मंडळाच्या www.gbshse.in आनी http://results.gbshsegoa.net/#/ ह्या संकेतथळांक भेट दिवन निकाल तपासचो.

गोंय शालांत मंडळान राज्यांत 1 मार्च 2025 ते 21 मार्च 2025 मेरेन धावेची परिक्षा घेतिल्ली. अंदू अठरा हजार आठशे आठतीस विद्यार्थी परिक्षेक बशिल्ले. तातुंतल 9280 चलयो आनी नव हजार पंचशे अठावंन चले आशिल्ले.

फाटल्या वर्सा धावेचे परिक्षेंत वट्ट 18,914 विद्यार्थी बशिल्ले. तातुंतले सुमार 17,चारशे त्रयत्तर विद्यार्थी पास जाले. एकूण निकाल ब्यांनव पूज्य आठतीस टक्के लागिल्लो. निकाल पत्रा वांटपाची तारीख बेगीनूच जाहीर जातली.

गोंय मंडळाच्या इतिहासांत पयलेच खेपे परिक्षा सोंपतकच 15 दिसां भितर निकाल जाहीर जाता. मंडळान मूल्यांकन केंद्रां वाडयल्ल्यान आनी मुल्यांकनाच्या वेळार परिक्षक आनी शाळां कडल्यान मेळिल्लो बरो प्रतिसाद आनी सहकार्याक लागून हें शक्य जालें, अशें मंडळान सांगलें.

Mahesh sir 60

कामाच्या सुवातेर जावपी लैंगीक छळ ह्या विषयाचेर एक कार्यावळ मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोय विद्यापीठाच्या कॉन्फरेन्स हॉलांत आयोजित केल्ली. काऱ्यक्रमांत , मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोय विद्यापीटाचे न्यायाधीश आनी उच्च न्यायालयाच्या कायदेशीर सेवा समितीचे अध्यक्ष न्यायाधीश वाल्मीकी मीनेझेस, अनारकली अग्नी वरिश्ठ वकील आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या कार्यावळींत कामाच्या सुवातेर लैंगीक छळ (POSH) कायद्या वांगडा लैंगीक समानताय, आनी हेर प्रस्नांचेर भर दिल्लो

Tarwati 110

दर्यात तारवार काम करपी तारवट्यांखातीर केंद्र सरकारान कल्याणकारी येवजण्यो सुरु करच्यो अशी मागणी आयज गोवा सीमॅन असोसिएशन आॅफ इंडिया या संस्थेन केल्या.

आयज या संघटनेवतीन राष्ट्रीय तारवटी दीस मनयलो. ह्यावेळार पत्रकारांकडेन उलयताना ह्या संघटनेचे अध्यक्ष फ्रॅंक व्हिएगस ह्यांनी केंद्र सरकारान तारवट्यांखातीर तारवटी कल्याण निधी सोसायटीची स्थापणूक करची अशी मागणी

केली. निवृत्त आनी दुबळ्या तारवट्यांक ह्या वरवी लाव दिवंचा्े अशी मागणी करपी पत्र केंद्रीय बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्री सरबानंद सोनोवाल हांकां धाडला अशें तांणी सांगलें. तारवट्यांच्या विधवाक मेळपी पेन्शन अडेज हजार मेरेन वाडोवचे. तारवार काम करताना खंयच्या तारवट्यांक मरण आयल्यार ताकतिकेची मदत म्हूण ताच्या कुटुंबाक दोन लाख रुपयांची मदत दिवची तसेच खंयचोय तारवटी बेपत्ता जालो किंवा खंयय ताका ओलीस दवरलो जाल्यार तो सुट मेरेन ताच्या कुटुंबाक दर म्हयन्याक धा हजार रुपये मेळपाची तजवीज करची अशी मागणी फ्रॅंक व्हिएगस हांणी केली.

Rajesh jatra 70

दिवचल म्हालातल्या मये गावातली माल्याची जात्रा फाल्या ६ एप्रिल 2025 दिसा वडा उमेदीन आणि भक्ती भावान जातली .मुळगावची पेठेची जात्रा तशेच मयेची माल्याची जात्रा या दोन्ही जात्रांचो संबंध एकमेकाकडे आसा आनि हाका लागून मयेची माल्याची जात्रा जावच्या तीन दिस आदीं मुळगाव देवीची पेठ भक्तगणांच्या साथीत मुळगावसावन मने गावात येता. आनी ही पेठ मये गावात दवरतात. उपरांत माल्याची जात्रा सुरु जाता.

Rajesh health 160

भलायकेचें म्हत्व पटोवन दितना प्रधानमंत्री  नरेंद्र मोदी ह्यांनी  दिल्लो मंत्र पुराय करपाचो गोंय राज्याचो यत्न चालू आसा अशी  म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणें हाणी  दिली.

वास्कोचे  आमदार दाजी साळकार आनी गोंय वैजकी म्हाविद्यालय हांच्या जोड पालवान वास्को हांगा आयज घडोवन हाडिल्ल्या वैजकी शिबिराचें उक्तावण केल्या उपरान्त उलयताना मंत्री राणे हाणे म्हळा, की आता मेरेन चडान चड वैजकी सेवा लोकां मेरेन पावोवपाचो यत्न सरकारान केला . मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचेकडेन आपणें आनिक शंभर एम्बुलंसी मागल्यात. तांतुतल्यो १० ते १२ एम्बुलंसी ह्यो फकत आताकाच्या दुर्येती खातीर आसतल्यो. तशेंच दर्या देगे लागसार एम्बुलंस सेवा उपलब्ध करून दिवपाचो निर्णय घेतिल्लो आसा. वैजकी सेवा ही प्रत्येक गोंयकाराच्या घरामेरेन पावोवप होच ही शिबिरां घडोवन हाडपा फाटलो उद्देश आसा अशें ताणि  म्हळा. ह्यावेळार आमदार दाजी साळकार हाणी  आपल्या खर्चातल्यान दिल्ल्या नव्या एम्बुलेंसीचें उक्तावण राणें हांचे हस्तुकी जाले. ह्यावेळार आमदार दाजी साळकार, नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार, गोंय वैजकी म्हविद्यालयाचे डॉ. शिवानंद बांदेकार आनी हेर सरकारी अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

Rajesh garbage 120

diवचल नगरपालिका वाठारांत कोयराचो प्रश्न सुटावो करपाखातीर पाकीट बंद गुटखा विक्रीचेर आळबंद हाडपाचो विचार पालिकेचो आसा. पालिका वाठारात गुटखाची पाकिटा पडून जावपी कोयराची समस्या सोडोवपाक पालिका वाठारात जनजागृती करतले आनि जनजागृती केल्याउप्रांत लेगीत कोयराचो  प्रश्न सुटावो जालो ना ,जाल्यार मुखावयली कृती आनी कारवाई करतले असो ठराव दिवचल पालिकेन घेतला .नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर हांचे अध्यक्षतेखाला जाल्या पालिका बसकेंत ठराव घेतलो.

हे वेळार पालिकेचे मुख्य अधिकारी एन्. तवळणेकर आनी पालिकेचे नगरसेवक हजर आसले .हे विषयाचेर उलयताना नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर हाणें सांगले की गुटखा पाकिटांक लागून दिवचल शहरात कोयराचो प्रश्न दिसान दिस गंभीर जायत आसा.हो प्रश्न सुटावो करपाखातीर जनजागृती करपाचे काम पालिका हातात घेतले आनि जागृती करून जर हो prasn सुटावो  जालो  ना जाल्यार  कारवाई करपाक पालिका फाठिफुडे पळवचीना अशे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर हाणी सांगले.

मुलाखत 60

न्हंय उदका येरादारी खात्यांत सहाय्यक रजेच्या कालावधीत कंत्राटी
पद्धतीन सहाय्यक स्टोर कीपराची नेमणूक करपा खातीर वॉक इन
इंटरव्हयू दवरल्या २६,000 सुमार मासिक पगार

इत्सूक उमेदवारांनी पुराय नांव, पत्तो ईमेल आनी मोबायल क्रमांक तशेंच पासपोर्ट
आकाराचो फोटो, गोंयांत 15 वर्सांचो राबितो प्रमाणपत्र आनी स्वता प्रमाणीत केल्ल्या
फोटो प्रती घेवन न्हंय उदका येरादारी खातें, गुरूद्वारा समोर
बेती. हांगा 9 एप्रिलाक सकाळीं १०:०० ते दनपारां १:०० मेरेन येवचे

तापमान 40

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान34.8 डिग्री सेल्सिअस
नोंद जाला तर किमान 25.6 डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता 52 % नोंद
जाला. राज्यात फुडले चार दिस 36-26 डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले पुराय
राज्यात फुडले 4 ते 5 दिस तापमान वताळ आनी दमट आसतले

गवर्नर 120 dip

गोंयचे राज्यपाल पी.एस.श्रीधरन पिल्लई हांनी  गोंयच्या लोकांक रामनवमीचयो परबीं दिल्या

आपल्या संदेशांत राज्यपाल हांनी म्हणला की "राम नवमीच्या शुभ प्रसंगाचेर गोंयच्या लोकांक हांव उमेदीन परबीं दितां." राम नवमी  हो एक अविस्मरणीय दिस आसा कारण ह्या दिसा भगवान श्रीरामाचो जल्म जाललो  भगवान श्रीराम हे धर्माचे मूर्त स्वरूप आणि विष्णूचे अवतार म्हणून पूजतात .  कर्तव्यनिष्ठ आनी आदर्श पूत, घोव आनी राजा म्हणून तांक वळखतात". भगवान श्री राम हांणी आमकां सत्य आनी न्याया खातीर समर्पित रावपाक, गरजेच्या वेळार धाडस  आनी धीर धारपाक आनी जैत आनी पराभवाच्या वेळार  नम्र रावपाक शिकयलें अशे तंणी मुखार म्हणला . राम नवमीच्या शुभ निमतान हांव गोंयच्या सगळ्या लोकांक आवाहन करतां की भगवान श्रीरामाच्या तत्वांचे आचरण करचे  आनी स्वताक , सद्भावना, समाजीक एकचार आनी समाजीक प्रगतीखतिर समर्पित  करचे अशे राज्यपालानी म्हणला

Cm rajesh

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या सप्नातलो भारत देश साकार करपा खातिर गोंय सरकार अंत्योदय तत्वाचेर काम करीत आसा. आत्मनिर्भर भारत आनी स्वयंपूर्ण गोंय हें सपन नजरेसमोर दवरून सरकार येणाऱ्या दोन वर्साच्या काळात सुमार 15000 सरकारी नोकरी दितले अशे मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणी उक्तायलें. साखळी हांगा काल राती जाल्या भाजप कार्यकर्त्या मेळाव्यात मुख्यमंत्री उलयताले.